05.11.2025 @ 7.20 PM

- आमदार संकल्प आमोणकार हांणी आयज गोंय सिवरेज कोरपरेशनाच्या अध्यक्षपदाचो ताबो घेतलो
- कूळ आणि मुंडकार कायद्या उपरांत गोय सरकारान म्हजी घर ही येवजण फुडे हाडल्या अशें मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें
- साखळीच्या रवींद्र भवनात फाल्या सावन दिवचल आणि सत्तरी तालुका मर्यादित कोकणी नाट्य सर्त सुरु जाता.
- भगवान बिरसा मुंडा जनजातीय गौरव वर्सा निमतान गोंय सरकारान फाल्यां मडगांव रविंद्र भवनात ' आदिवासी विचार मंथन ' कार्यावळ आयोजीत केल्या.

आमदार संकल्प आमोणकार हांणी आयज गोंय सिवरेज कोरपरेशनाच्या अध्यक्षपदाचो ताबो घेतलो. ह्या म्हामंडळा वरवी फुडल्या 6 म्हयन्यात नवी प्रकल्पाची कामा सूरू जावपाची आसा ,तशेंच खंयच्या प्रकल्पाची कामा पुराय जाल्यात ताची म्हायती आमोणकार हांणी ह्यावेळार दीली.सिवरेजीच्यो जोडण्यो लोकांनी घेवच्यो अशेय तांणी ह्यावेळार म्हणला.ह्या म्हामंडळा वरवी येवपी कामा बेगोबेग करपाच्या नदरेतल्यान काम करतलो अशे ह्यावेळार संकल्प आमोणकार हांणी म्हणला.

कूळ आणि मुंडकार कायद्या उपरांत गोय सरकारान म्हजी घर ही येवजण फुडे हाडल्या ती फक्त गोयच्या लोकांक न्याय मेळचो ह्याच हेतान आसा अशें मडगावच्या रवीन्द्र भवनात जाल्ल्या सुवाळ्यात उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. ही येवजण सुरु करताना कायद्याचो पुराय अभ्यास केला. पूण विरोधक फकत विरोधाखातीर ह्या येवजणेक विरोध करतात अशें मत तांणी उक्तायलें.मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत मडगाव, फातोड्डे, नावेली आनी कुडतरी ह्या चार मतदारसंघातल्या लोकांक ह्या येवजणेचे अर्ज वाटले. ह्यावेळार भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार, कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स तसेच मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हाजीर आशिल्ले.हे येवजणेखाला सरकार लोकांक फुकट घरा दिना, मात तांणी हे आदी बांदिल्ल्या घराक कायदेशीर करपाक आदार दिता. ही येवजण सगळ्या लोकांखातीर उक्ती आसा आनी तातूंत कसलोच पक्षपात जाल्लो ना अशें तांणी सांगलें.

मिंगेलीना डिसोजा रायची नवी सरपंच म्हणून वेचून आयली आज जाल्ल्या मतदानात ताणी आपलो प्रतिस्पर्धी जुदास क्वाड्रोस हांचेर 6 आड 4 मतांनी जैत मेळयलें.आदली सरपंच जासिंता डायस हांचे आड अविश्वास थाराव हाडून तांका ह्या पदा वयल्यान काडून उडयल्ल्यान रीती जाल्ली सुवात भरपा खातीर आयज बसका आपयल्ली. मतदानाच्या वेळार एक पंच वांगडी गैरहाजीर आशिल्लो.

रवींद्र भवन साखळी आणि गोवा कोकणी अकादमी यांच्या जोडपालवान साखळीच्या रवींद्र भवनात फाल्या सावन दिवचल आणि सत्तरी तालुका मर्यादित कोकणी नाट्य सर्त सुरु जाता. उक्तावण सुवाळ्याक मुख्यमंत्री दो प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हणून असतले. त्यांच्या संगतान कोकणी साहित्यिक आणि नाटककार पुंडलिक नारायण नायक मानाचे सोयरे म्हणून असतले. सांजवेळा 6 वरां 45 मिनिटांचेर जावपी या सुवाळ्याक गोवा कोकणी अकादमीचे अध्यक्ष पूर्णानंद चारी ,रवींद्र भवन साखळीचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चीमुलकर आणि रवींद्र भवनचे वांगडी सचिव श्रीपाद माजीक हजर असतले.

सुमार सवाय दोन कोटी रुपये खर्चून दुरुस्त केल्ले मडगाव रवीन्द्र भवनातले पाय तियात्रिस्त हे मुखेल सभाघर आनी ब्लॅक बॉक्स आयज लोकांखातीर मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी उक्ते केले. दुरुस्तेखातीर फाटल्या मे म्हयन्यांसावन ही दोनूय सभाघरां बंद आशिल्ली. ती आता लोकांखातीर उक्ती जाल्यात अशें मुखेलमंत्र्यांनी ह्यावेळार सांगलें. रवीन्द्र भवनाचो उपेग कला आनी संस्कृती जतनाये खातीर जातलो अशें तांणी सांगलें.ह्या सुवाळ्याक कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर, भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, नावेलीचे आमदार उल्हास तुयेकार तसेच रवीन्द्र भवनचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हे हाजीर आशिल्लें.

भगवान बिरसा मुंडा जनजातीय गौरव वर्सा निमतान गोंय सरकारान फाल्यां मडगांव रविंद्र भवनात ' आदिवासी विचार मंथन ' कार्यावळ आयोजीत केल्या. राज्यातल्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या सगळ्या अनुसूचीत जाती वर्गातल्या शिक्षकांनी ह्या 'आदिवासी विचार मंथन ' कार्यावळीक हाजीर रावंचे तशेच शाळांच्या प्राचार्यांनी आदिवासी वर्गातल्या शिक्षकांक ह्या कार्यावळींक हाजीर रावपाक परवानगी दिवंची अशें शिक्षण संचालनालयान उजवाडयल्या पत्रकांत म्हळां.

राष्ट्रीय सहकार धोरण 2025 प्रमाण, गोंय राज्य सहकार धोरण 2025 तयार करपा खातीर सरकारान एनआरआय वेव्हार आयुक्त ॲड. नरेंद्र सावईकर हांच्या यजमानकेखाला 4 नोव्हेंबराक जाल्ल्या समितीच्या बसकेत गोंय राज्य सहकार धोरण 2025 तयार करपा खातीर लोकांकडल्यान सुचोवण्यो मागोवपाचो निर्णय घेतला. गोंय राज्य सहकार धोरण 2025 तयार करपा खातीर लोकांनी आपल्यो म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो, मतां दिवपाची विनंती सहकार खात्यान केल्या. लोकांनी आपल्यो सुचोवण्यो, मतां 25 नोव्हेंबर मेरेन सहकार संस्थां निबंधक कार्यालय, सहकार संकुल, 4थो माळो, पाटो-पणजी- हांगा सुपुर्द करची. राष्ट्रीय सहकार धोरण 2025 लोकांच्या

म्हायती खातीर खात्याच्या www.coopgoa.gov.in. ह्या पोर्टलाचेर अपलोड केल्ले आसा.

गोंय भौशीक प्रशासन संस्थेन सरपंच, उपसरपंच आनी उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या ग्राम पंचायतींच्या वांगड्यां खातीर 03 नोव्हेंबर ते 07 नोव्हेंबर मेरेन त्रिपुराक एक्सपोझर भेटी घडोवन हाडल्या. एक्सपोझर भेटीचो एक भाग म्हूण ते त्रिपुरांतल्या लिंग समानता संवेदनशील ग्राम पंचायतींक भेट दितले आनी स्वताच्या स्त्रोत महसूल/थळाव्या शाश्वत उदरगत ध्येय LSDG चेर सर्वोत्तम पद्दतींचो अभ्यास करतले.ह्या पंगडात ३१ सहभागी आसात आनी ताचें फुडारपण सहाय्यक संचालक डॉ.सीमा फर्नांडीस, आनी मुखेल प्राध्यापिका जीपार्ड, हेगेल दा कोस्टा, करतली. गिपार्डीन 03 ते 06 नोव्हेंबर 2025 मेरेन उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्यान स्वताची मजत गट वांगडी, क्लस्टर लेव्हल फेडरेशन गांव संघटना  अंतर्गत मार्गदर्शक आनी ब्लॉक समन्वयकां खातीर त्रिपुराक एक्सपोझर भेटी घडोवन हाडल्या.

झेवियर सेंटर ऑफ हिस्टोरिकल रिसर्च XCHR  परवरी, 2025 वर्सा खातीर वर्सुकी XCHR गोंय हिस्ट्री क्विझ सर्तीची बारावी आवृत्ती घडोवन हाडटा.ह्या वर्सा सावन मडगांवच्या लोयोला हायस्कुल आनी मापसा हांगाच्या सेंट ब्रिटो हायस्कुलाच्या सहकार्यान ही प्रश्नमंजुषा सरत घडोवन हाडटा.गोंयच्या शाळेच्या विद्यार्थ्यां मदीं इतिहासीक जागृताय तशेंच गोंयच्या इतिहासाची खोलायेन कौतुक करपा खातीर XCHR Goa History Quiz - एक अखिल गोंय आंतरशालेय प्रश्नमंजुषा सर्त - 2011 वर्सा सावन आयोजीत केल्या. वर्सां भितर XCHR गोवा इतिहास प्रस्नमाची गोंयांतली एक प्रतिश्ठीत प्रस्नमाची सर्त म्हण विकसीत जाल्या. फाटल्या वर्सा 76 वयर शाळांतल्या सुमार 390 विद्यार्थ्यांनी हातुत वांटो घेतिल्लो.सरत  दोन टप्प्यांनी आयोजीत करतले. प्राथमीक परिक्षा शेनवारा, 15 नोव्हेंबर क  सेंट ब्रिटो हायस्कुल, मापसा आनी लोयोला हायस्कुल, मडगांव जातली. वट्ट बारा पंगड योग्यताये प्रमाण वेंचून काडटले जे शेनवारा, 22 नोव्हेंबराक परवरी झेवियर सेंटर ऑफ हिस्टोरिकल रिसर्च हांगा जातली . क्विझमास्टर हे संडे इव्हनिंग क्विझ क्लबाचे राजीव डी’सिल्वा आसतले.

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयाच्या खाला पेन्शन आनी पेन्शनर कल्याण खातें 1 ते 30 नोव्हेंबर मेरेन देशभरांतल्या डिजिटल जीवन प्रमाणपत्र मोहीम 4.0 च्या चवथ्या टप्प्याची अंमलबजावणी करतले.ही मोहीम केंद्र सरकाराच्या डिजिटल इंडिया आनी जीवन सुलभतेच्या उद्दिश्टां प्रमाण तयार केल्या. ही मोहिम म्हणजे निवृत्ती वेतन धारकांच्या डिजिटल सक्षमी करणाखातीर  राबयलो  एक महत्त्वाचो उपक्रम थारतलो.

दुरुस्ती योग्यता निर्देशांकां वरवी गिरायकांक सक्षम करपा खातीर सरकारान लोगो डिझायन सर्त जाहीर केल्या. देशभरांतल्या नागरिकां कडल्यान सृजनशील कल्पना एकठांय करप आनी व्यापक भौसाक हे मोहिमेंत वांटेकार करून घेवप हो ह्या उपक्रमाचो हेत अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलें. तशेंच प्रस्तावीत लोगो जबाबदार वापर आनी गिरायक सक्षमीकरणाक चालना दितले अशे मंत्रालयान. ही सर्त सोळा वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या सगळ्या भारतीय नागरिकांक उक्ती आसा. सगळ्या भाग घेवप्यांक मूळ लोगो डिझाइनसयत डिझाइन कल्पना आनी विशयाक ताची प्रासंगिकता स्पष्ट करणारी एक संक्षिप्त संकल्पना सादर करची पडटली अशें मंत्रालयान सांगलें. नोंदी ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखे मेरेन मायगॉव पोर्टलाचेर थारायिल्ल्या स्वरूपांत अपलोड करच्यो. मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण जिखपी नोंदणीक 25 हजार रुपया रोख इनाम मेळटलें

एअर इंडिया दिल्लीक वचपी विमान AI174 मधल्या प्रवाशांक हाडपाक एक मदत विमान, जे काल मंगोलियातया उलानबातर हांगा वळयले. आयज दनपारां दिल्ली सावन सुटीले परत येवपाची विमान फाल्यां सकाळीं बाधित प्रवाशांचे वांगडा परतून येतली अशें एअर इंडियान सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. तशेंच थळाव्या अधिकाऱ्यां कडेन आनी मंगोलियांतल्या भारतीय दूतावासाक समन्वय करून प्रवासी आनी कामगारांची जतनाय घेता अशें एअर इंडियान सांगलें.

गोवा फुटबॉल असोसियेशनाच्या प्रोफेशनल लीग फुटबॉल सर्तीत गोवा पोलीस जीनो एफ सि धेंपो sports क्लबान विजयाची नोंद केली.

न्यू चंदिगढ हांगा पंजाब क्रिकेट असोसियेशनाच्या स्टेडीयमार जाल्या रणजी करंडक एलिट ब गट चार दिसांचो क्रिकेट खेळ निमण्या दिसा अनिर्णीत उरलो. गोयच्या आता तीन लढतीतल्यान एक जैत आणि दोन अनिर्णीत कामगिरी सयत ११ गुण जाल्यात.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला